# संस्कृती भवनात खादी कपड्यांच्या   विक्री प्रदर्शनाचे उक्तावण

ता. 12 ऑगस्ट 2024

गोंय खादी आनी ग्रामीण उद्देग मंडळान स्वातंत्र्य दिसा निमतान ता. 12, 13 आनी 14 ऑगस्ट 2024 मेरेन संस्कृती भवन, पाटो पणजी हांगा आयोजीत केल्ल्या खादीचे कपडे, राष्ट्रीय तिरंगो आनी हेर उत्पादनांच्या विक्री प्रदर्शनाचे उक्तावण मंडळाचे अध्यक्ष आमदार श्री. आंतोन वाज हांचे हस्तुकीं जाले. खादी उत्पादनांच्या खरेदीचेर 10 ते 20 टक्के सूट दितले.

ह्या वेळार उलयतना श्री. आंतोन वाज हांणी थळावे कारागिर आनी वेवसायिकांक आपल्या उत्पादनांचो वेवसाय वाडोवपाखातीर गोंय खादी आनी ग्रामीण उद्देग मंडळाच्या येवजणांचो लाव घेवपाचो उलो मारलो. तशेंच तांणी गोंयच्या लोकांक प्रदर्शनाक भेट दिवन वस्तुंची खरेदी करपाचोय उलो मारलो, जेणे करून आनी गोंयचे कारागिर आनी वेवसायिकांक फायदो जातलो.

गोंय खादी आनी ग्रामीण उद्देग मंडळाच्या उपक्रमांतल्यान थळाव्या युवकांक रोजगार मेळोवन दिवपात येता. युवकांनी आधुनिक तंत्रज्ञानाचो उपेग करून ग्रामीण उद्देगांनी वाड करपाची गरज आसा, अशेंय तांणी सांगलें.

मंडळाचे उपाध्यक्ष श्री. सर्वानंद भगत हांणी खादी उद्देगाक प्रोत्साहन दिवन रोजगार निर्माण करपाच्या उद्देशान प्रधानमंत्री श्री. नरेंद्र मोदी हांणी केल्ल्या प्रयत्नांची तोखणाय केली.

मंडळाचे मुख्य कार्यकारी अधिकारी श्री. वेनासियो फुर्तादो हांणी उपस्थितांक येवकार दिलो.

मंडळाचे वांगडी रॉकझिन्हो डिसौझा, शशिकांत परब, विलास देसाय, जिल्हा पंचायत वांगडी श्रीमती मर्सियाना वाज, मंडळाचे संचालक श्री. विजेंद्र सिंग, केंद्रीय वाचनालयाच्यो क्युरेटर श्रीमती सुलक्षा कोळमुळे हांची ह्या वेळार उपस्थिती आशिल्ली.

श्रीमती प्रिता परब हांणी कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन केले आनी श्रीमती सुषमा नाईक हांणी निमाणे उपकार मानले.

म्हा /सप/ / विगां/ 2024/394

--

------------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.